**गोंय राज्य म्हायती आयोग**

"कामत टॉवर्स" सातवो मजलो, पाटो, पणजी गोंय ४०३००१

फोन: ०८३२-२४३७८८०/२४३७२०८ ईमेल: spio-gsic.goa@nic.in

वेबसायट: www.gsic.goa.gov.in

---

**श्री. आत्माराम रा. बर्वे** राज्य म्हायती आयुक्त

**अपील क्र. ४४२/२०२३/**SIC

श्री. निशांत गुरुदास सावंत,
महालक्ष्मी बांदोडे, फोंडें गोंय (**अपीलकर्तो**)

विरुद्ध

भौशिक म्हायती अधिकारी-
अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-२,
जिल्हाधिकारी कार्यालय दक्षिण गोंय (**प्रतिवादी १**)

पयलें अपील प्राधिकरण,
अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-१,
जिल्हाधिकारी कार्यालय दक्षिण गोंय (**प्रतिवादी २**)

**अपील सादर केल्ली तारीख: १३/१२/२०२३**
**निवाड्याची तारीक: १९/०३/२०२५**

**निवाडो/आदेश**

1. अपीलकर्तो श्री. निशांत गुरुदास सावंत हाणी दिनांक २३/११/२०२२ दिसा भौशिक म्हायती अधिकारी-अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-२, जिल्हाधिकारी कार्यालय दक्षिण गोंय हांका सादर केल्ल्या म्हायती हक्क कायदो, २००५ अंतर्गत अर्जातल्यान ह्या अपील प्रकरणाचो उगम जाता.
2. अपीलकर्त्यान आपल्या अर्जाच्या माध्यमातल्यान वट्ट स (आंकडो ६) मुद्द्यांचेर उपरोल्लेखित भौशिक म्हायती अधिकाऱ्याकडल्यान म्हायती मागली.
3. अर्ज सादर जाल्ल्या दिसा सावन ३० दिसांभितर सदर भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान संबंधित अर्जातली म्हायती आपल्या ताब्यांत नाशिल्ल्या कारणान



Scanned with ACE Scanner

म्हायती हक्क कायदो, २००५ च्या कलम ६(३) अंतर्गत गोय सरकारच्या वीज पुरवण खात्याक हस्तांतरित केलो.

4. ह्या मजगतीं, म्हायती मेळूंक नाशिल्या कारणान आनी ३० दिसांची मुदत सोपिल्ल्या कारणान अपीलकर्त्यान पयल्या अपील प्राधिकरणाकडेन अपील अर्ज केलो.
5. पयल्या अपील प्राधिकरणान सदर अर्ज ग्राह्य धरून दिनांक १६/०८/२०२३ दिसा आपलो निवाडो दिवन भौशिक म्हायती अधिकाऱ्याक आदेश दिलो की अपीलकर्त्यान मागिल्ली म्हायती कोंकणी भाशेंतल्यान आनी क्रमवार पद्धतीन दिवची.
6. ह्या आदेशाचे पालन करीत १४/०९/२०२३ दिसा सदर भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान अपीलकर्त्याक म्हायती दिली.
7. म्हायती सादर जावपाक कळाव लागलो आनी म्हायती हक्क कायद्याच्या तरतुदींचे उल्लंघन जालां अशी भूमिका घेवन अपीलकर्त्यान राज्य म्हायती आयोगाकडेन १३/१२/२०२३ दिसा सदर अपील दाखल केली.
8. राज्य म्हायती आयोगामुखार दिनांक ०६/०२/२०२४ सावन ह्या प्रकरणाची सुनावणी सुरु जाली.
9. मजगतींच्या काळांत राज्य म्हायती आयुक्तांचो कार्यकाळ सोंपलो आनी नवी नियुक्ती जावंक नाशिल्या कारणान हें प्रकरण फुडें वचूंक ना.
10. नवीन म्हायती आयुक्ताची नियुक्ती जाल्या उपरांत दिनांक ०७/१०/२०२४ सावन नियमित सुनावणी सुरु जाली.
11. कोंकणी राजभास आसून लेगीत ह्या भाषेंतल्यान म्हायती मेळना वा म्हायती मेळपाक कळाव जाता तशेंच भौशिक हितांच्या कामाचो विनिमय जावपाक आडमेळे येता.
12. प्रतिवादी भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान नमूद केलें की अर्जदारान मागिल्ली म्हायती इंग्लिश भाषेंत आशिल्ली आणि राजभास संचालनालयाकडल्यान ती अनुवादित करून घेवची पडील्ल्या कारणान कळाव जालो पुण अपीलकर्त्याक पुराय म्हायती दिली आनी म्हायती हेतुपुरस्सर लिपोवंक ना.
13. दोनुय पक्षांची मतां आयकुन हो आयोग कांय निष्कर्षांचेर पावला; ते अशे:



Scanned with ACE Scanner

अ) अर्जदार/अपीलकर्तो हाणे म्हायती हक्क कायद्याखाला सादर केल्लो अर्ज कोंकणी भाषेंत आसलो तरिय ताचो ३० दिसांभितर विलो लावन भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान अर्जदाराक कळीत करप गरजेंचें आसा.

आ) अर्जदारान कोंकणी भाषेंत म्हायती मागल्यार भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान कोंकणी भाषेतल्यानूच जाप दिवपाक जाय.

इ) ह्या प्रकरणांत भौशिक म्हायती अधिकारी-अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-२, जिल्हाधिकारी कार्यालय दक्षिण गोंय हाणे अपीलकर्त्याचो अर्ज योग्य तरेन म्हायती हक्क कायद्याच्या कलम ६(३) अंतर्गत वीज पुरवण खात्याक हस्तांतरित केलो.

ई) ह्या प्रकरणांत भौशिक म्हायती अधिकारी-अतिरिक्त जिल्हाधिकारी-२, जिल्हाधिकारी कार्यालय दक्षिण गोंय हाणे हेतुपुरस्सर म्हायती दिवंक ना वा दिवपाक कळाव केलो अशें अपीलकर्तो सिद्ध करपाक शकलो ना.

उ) सरकारी नोकरी मेळपाक कोंकणी भाषेचें गिन्यान ही आवश्यक पात्रताय जावन आसा. अशे आसुनुय कोंकणी भाषेतल्यान आयिल्ल्या अर्जांक कोंकणीतल्यान जाप दिवपाक अनुवाद/ अणकार करपाची सबब दिवन जावपी कळाव खेदजनक आसा.

ऊ) पयल्या अपील प्राधिकरणान दिल्ल्या निवाड्याक अनुसरून भौशिक म्हायती अधिकाऱ्यान अर्जदाराक म्हायती दिल्ल्या कारणान "अर्जदाराक म्हायती न्हयकारली" अशे म्हणपाक कायंच सबळ कारण ना.

14. सदर अपील आयकून घेता आसताना सामकार आयिल्या मुद्यांचो सर्वंकष विचार करून सकयल दिल्ल्या आदेशा वरवीं; ह्या प्रकरणाचो निवाडो दितां:

अ) सदर अपील ग्राह्य धरूंक ना.

आ) राजभास कोंकणी प्रशासनिक स्तराचेर चडांत चड वापरांत येवची म्हण नागरिकांनी कोंकणी भाषेतल्यान केल्या अर्जांक वा पत्रवेव्हाराक कोंकणीतल्यानूच जापो मेळच्यो अश्या प्रकारच्यो



Scanned with ACE Scanner

सूचना गोंय सरकारान आपल्या मुखेल सचिवा वरवीं सगळ्या प्रशासनिक खात्यांक १५/०४/२०२५ मरेन जारी करच्यो आनी ह्या कारवायेची पूर्तता जाल्ल्याचो नियाळ २४/०४/२०२५ मेरेन राज्य म्हायती आयोगाक कळीत करचो.

15. ह्या निवाड्याच्यो सत्यापित प्रति सगळ्या संबंधित पक्षांक आनी अधिकारिणींक नि:शुल्क दिवच्यो.

16. हो निवाडो मान्य नासल्यार माननीय उच्च न्यायालयामुखार रिट पेटिशन सादर करचे, कारण म्हायती हक्क कायदो, २००५ अंतर्गत राज्य म्हायती आयोगाच्या वयर दुसरें अपील प्राधिकरण ना.

**आत्माराम रा. बर्वे**
राज्य म्हायती आयुक्त

Scanned with ACE Scanner